# भलायकी मंत्र्याहस्तूकी देवळाच्या बांदकामाची पायाभरणी

ता.7 मे 2018
17 वैशाख 1940

भलायकीमंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी आयज सत्तरीतल्या शेळ माळोली हांगा देवळाच्या बांदकामाची पायाभरणी केली.

ह्या वेळार उलयताना श्री. राणे हांणी श्रध्दास्थान आशिल्ली देवळां समाजात एकवट राखपाक आनी विकासाखातीर म्हत्वाची आसता, अशें सांगले.

सरकारी हॉस्पिटला, भलायकी केंद्रा आनी दवाखान्यातल्या सुविधांचो दर्जो वाडोवन लोकांक बरी भलायकी सुविधा उपलब्ध करपाखातीर सरकारान प्रयत्न सूरू केल्ले आसा, अशेंय तांणी ह्यावेळार सांगले.

जिल्हो पंचायत वांगडी श्री. प्रेमनाथ हजारी हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

सुरवेक देवस्थान समितीचे अध्यक्ष श्री. रामा मेळेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. सचिव श्री. श्याम सांगोडकर हांणी निमणे उपकार मानले.

श्री. संतोष मेळेकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.